# शालांत आनी उच्च माध्यमिक परीक्षेखातीर खाजगी उमेदवारांकडल्यान अर्ज

ता. 11 मे 2018
21 वैशाख 1940

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान मार्च/एप्रिल 2019 च्या उच्च माध्यमिक आनी शालांत परीक्षेखातीर नावनोंदणी करपाक इत्सूक आशिल्ल्या खाजगी उमेदवार आनी आयटीआय उमेदवाराकडल्यान अर्ज मागल्या.

विहित नमून्यातले अर्ज मंडळाच्या कार्यालयातल्यान 31 जुलय 2018 मेरेन 30 रूपया भरून मेळोवक येता. नावनोंदणीखातीर अर्ज स्वीकारपाची निमणी ता. 15 सप्टेंबर 2018 आसा, जाल्यार फकत खास कारणाखातीर 10 ऑक्टोबर 2018 मेरेन उसरा अर्ज स्वीकारतले.

नावनोंदणी प्रमाणपत्र ता. 5 नोव्हेंबर 2018 मेरेन मंडळाच्या कार्यालयातल्यान मेळोवचे. तशेंच ऑनलायन परीक्षा अर्ज भरपाचे वेळापत्रक मंडळाच्या कार्यालयातल्यान जाणून घेवचे.

शालांत परीक्षेखातीर आयटीआय विद्यार्थी सोडून खाजगी उमेदवाराची पिराय ता. 1 मार्च 2019 दिसा 17 वर्सां आनी त्यावयर आसपाक जाय आनी उच्च माध्यमिक परीक्षेखातीर विद्यार्थ्यींची पिराय ता. 1 मार्च 2019 दिसा 19 वर्सां पूर्ण जाल्ली आसपाक जाय.

चड म्हायतीखातीर मंडळाच्या ु.सलीहीश.सीं.ळप ह्या संकेत थळाचेर पळोवचे.